# मागण्यांत देवा लागीं सोरचें

*दिसपोटें मागणें करचें कित्याक म्हत्वाचें? (१)*

*कोणांक आमी मागणें करचें, आनी कोशें? (२, ३)*

*मागण्यांक लागोन विशेष विषय खुंयचे? (४)*

*तुवें केदनां प्राथूंचें? (५, ६)*

*सगलीं मागणीं देव आयकता काय? (७)*



१. मागणें जावन आसा खालती कायेन देवाशीं उलोवप. तुवें देवाशीं दिसपोटें मागोंक जाय. ह्यापरीं तुका ताचेशीं एक मोगाळ इस्ट कसो लागींचो भासोंक येता. यहोवा इतलो वरीष्ठ आनी बोळादीक आसा, तोरुय तो आमचीं मागणीं आयकता! तुं देवाक दिसपोटें मागणें कोरताय काय?—स्तोत्रां ६५:२; १ तेसालोनीक्कारांक ५:१७.

२. मागणें आमच्या भक्तेचो एक वांटो जावन आसा. ह्यापरीं, आमी *फोकोत* देव यहोवाक मागणें करूंक जाय. जेजू पृथ्वीचेर आस्तानां ताणें सदांच



ताच्या बापाक मागणे केलें, आनी दुसऱ्या कोणाकूय न्होय. आम्ही तोसेंच करूंक जाय. (मातेव ४:१०; ६:९) तोरुय आस्ताना, आमचीं सगलीं मागणीं *जेजूच्या नांवान* मुणोक जाय. ह्यापरीं दाकोयता की आमी जेजूच्या भेसाक मरियाद दाकोयतांव आनी आमकां ताच्या सोडवण बलीदानाचेर पातयेणी आसा मुण.—जुआंव १४:६; १ जुआंव २:१, २.

३. जेदनां आमी मागतांव तेदनां आमी देवाशी आमच्या काळजां थावन उलोवूंक जाय. आमचीं मागणीं तोंडपाठ करून मुटलोलीं वो मागण्या पुस्तकां-तुल्यान वाचलोलीं अशीं आसचीं न्होय. (मातेव ६:७, ८) आमी खुंयच्याय मर्यादेच्या स्थितींत, खुंयच्याय वेळार, खुंयच्याय जाग्यार मागणें करूंक शक-तात. आमच्या काळजांत गपचीप पासून मुटलोलीं मागणीं देव आयकूंक शकता. (१ सामुयेल १:१२, १३) आमचीं खाशा मागणीं मुणोंक लागोन एक सुसमाधान जागो दुसऱ्या लोका थावन पोयस असो विचूंन काडल्यार बरो.—मार्क १:३५.



४. कसले विषय तूं मागूंक शकता? कितेंय जें तुज्या ताचें थांय आसलोल्या इस्टागोतीक घडये परि-णाम करता तें. (फिलीपकारांक ४:६, ७) नोमुनो मागणें दाकोयता की आमी यहोवाचें नाव आनी उद्येश या विषांत मागोंक जाय. आमी आमच्यो भौतीक गोरजो पुरवोटो करूंक लागोन, आमचीं पातकां भोगशीवपाक लागोन, आनी ताळण्यो प्रतिकार करूंक मजत करूंक लागोन पासून मागोंक सकतांव. (मातेव ६:९-१३) आमचीं मागणीं आपसूवाडती आसचीं न्होय. देवाच्या खोशेक मांदवोतात त्योच वस्तू फोकोत आमीं मागोंक जाय.—१ जुआंव ५:१४.

५. जेदनां तुमचें काळीज देवाक उपकार मांदूंक वो अर्गां दिवूंक चांट मारता तेदनां तुमी मागणें करूं येता. (१ इतिहास २९:१०-१३) जेदनां तुमकां समस्या येतात आनीं तुमच्या भावार्ताची परिक्षा जाता तेदनां तुमीं मागणें करूंकूच जाय. (स्तोत्रां ५५:२२; १२०:१) तुमचीं जेवणां तुमी जेंवच्या आदीं मागणें करप जोकतें जावन आसा. (मातेव १४:१९) “दोर एक प्रोसोंगार” मागणें करूंक यहोवा आमकां आमंत्रण दिता.—इफेज-कारांक ६:१८, *NW*.

६. जोर तोर आमी एक खर पातक आदारतांव तोर आमी खेरीत करून मागणें करची गोरोज आसा. असल्या वेळार आमी यहोवाच्या काकूटीची आनी भोग-सोण्याची भीक मागोंक जाय. जोर तोर आमी आमचीं पातकां ताका कबूल कर्तांव आनी दुसोर तीं नां आदा-रूंक आमच्यान जाता तें कर्तांव, तोर देव “भोग-सूंक तयार” आसा.—स्तोत्रां ८६:५, *NW*; म्हणण्यो २८:१३.

७. यहोवा फोकोत नितीवोंत मुनशाचीं मागणीं आय-कोता. तुमचीं मागणीं देवान आयकूंक जाय, तोर तुमीं ताच्या कायद्यां प्रमाणें जीयोंक तुमच्यान जाता तितलो प्रयत्न करूंक जावो. (म्हणण्यो १५:२९; २८:९) मागणे करताना तुवें खालतो उरोंक जावो. (लुकास १८:९-१४) तूं मागणें करताय ताका लागोन तुवें काम करची गोरोज आसा. ह्यापरीं तूं शाबीत करताय की तूका पातयेणी आसा आनी तूं कितें मागताय ताचो अर्थ खरोच जाणांय. फोकोत त्या वेळार यहोवा तुजीं मागणीं पोर्तीपाळ करता.—हिब्रेवांक ११:६.